# दक्षिण गोंयात पावसाळयात रस्ते खणपाक बंदी

ता. 20 जुलय 2018
29 आषाढ 1940

दक्षिण गोंय जिल्होन्यायदंडाधिका-यान दक्षिण गोंयच्या वाठारात जिल्होन्यायदंडाधिका-याच्या पूर्व लेखी परवानगीबगर खंयच्याय व्यक्तीक, यंत्रणांक व संस्थेक रस्तो वा रस्त्याचो कोनसो, खंयचीय पायण वा वाट खणपाक वा कापपाक मनाय केल्या.

गुन्यांवकारी कायदो 1973 च्या 144 कलमाच्या तरतूदीखाला जारी केल्लो हो आदेश 15 जुलय 2018 सावन ते 13 सप्टेंबर 2018 मेरेन हो आदेश लागू उरतलो.

ह्या आदेशाचे उल्लंघन करपी खंयचीय व्यक्ती वा यंत्रणेआड दंडात्मक कारवाय जातली.